समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांचो बाळ्ळी हांगा सत्कार

ता. 25 एप्रिल 2022

डॉ. आंबेडकर कृती मंच, गोंय आनी परवार समाज, बाळ्ळी हांच्या जोड पालवान परवारवाडो- बाळ्ळी केपे हांगा डॉ. बाबासाहेब आंबेडकरांच्या १३१ व्या जयंतीनिमतान आयोजीत खास कार्यक्रमात समाजकल्याण मंत्री श्री सुभाष फळदेसाय हांचो सत्कार केलो.

एनआरआय आयुक्त ॲड नरेंद्र सवाईकर, जिल्हा पंचायत वांगडी श्रीमती संजना वेळीप, केपे नगरपालिकेच्यो नगरसेविका श्रीमती नंदिता प्रभुदेसाय, बाळ्ळी पंचायतीचे पंच वांगडी श्री राजेश फळदेसाय, ॲड कृष्णकांत हेगडे देसाय, अध्यक्ष, डॉ आंबेडकर कृती मंच गोंयचे अध्यक्ष श्री विनोद पवार, उल्हास परवार आनी हेरांची ह्या वेळार उपस्थिती आशिल्ली.

ह्या वेळार उलयताना श्री. फळदेसाय हांणी सांगलें, की समाजकल्याण विभाग हो एक असो विभाग आसा ज्यावरवीं मनशान आपले कर्तव्य प्रामाणिक आनी नि:स्वार्थपणान निभायल्यार समाजाच्या हिताचे काम करपाक जाता. सरकाराचे निमाण्या नागरिकामेरेन पावपाचे उद्दिश्ट ह्या खात्याच्या माध्यमातल्यान साध्य जावपाक शकता. ह्या खात्याच्या येवजणांचो राज्यातल्या गरजू आनी पात्र लोकांक लाव जातलो हाचेर म्हजे लक्ष आसतलें. समाजकल्याण खात्याच्या विंगड विंगड योवजणांविशीं लोकांमदी जागृताय करपाची गरज आसून, जेणेकरून अशा येवजणांचो लाव पात्र लोकांक मेळटलो, अशें तांणी म्हणलें.

श्री. नरेंद्र सवाईकर हांणी म्हणलें, श्री. फळदेसाय हे आपल्या खात्यांक नक्कीच न्याय मेळोवन दितले. समाजाच्यो आनी खास करून अर्थीक मागास घटकांच्यो वेगवेगळ्यो समस्या समाजकल्याण खात्याच्या माध्यमातल्यान सोडोवपाक येतात, अशें सांगून तांणी डॉ. बाबासाहेब आंबेडकरांच्या "शिकात, संघटीत जायात आनी आपल्या हक्कांखातीर लढात, ह्या उतरांचो उल्लेख केलो.

सुरवातीक विनोद पवार हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. जाल्यार कमलाकर परवार हांणी निमाणे उपकार मानले. श्री राजू परवार हांणी सूत्रसंचालन केले.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/294

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji